Pm 20

आमचे शेतकार राष्ट्र निर्मानाचे मजबूत साथीदार आसात. तांच्या यतनाक लागुनुच आत्मनिर्भर भारत अभियान घटमुट जाला अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हानी म्हणला byte

जाण ५०

फोंडा तालुक्यातल्या सावयवेरें गांवचे संजय पाटील फाटली कितलीशींच वर्सा पारंपरीक पद्धतीन शेती करतात. उदकांचो इबाड आनी जमनीची धूप जायनासताना सैमिक शेती - बागायती करपी शेतकार म्हूण ताणी नामनां जोडल्यात. तांच्या वावराची दखल घेवन भारत सरकारान तांका पद्मश्री पुरस्कारान सन्मानित केल्यात. सैमिक शेती कशी लावकारक आसता हाचे विशी तांणी दिल्ली ही म्हायती

120

रस्ते खणटकुच ते परत पयलीबशेन दुरुस्त करुन दिवप ही रस्ते खणील्या त्या विभागाची वा खात्याची जापसाल दारकी आसतली. ह्यानफुडे रस्ते खणुन ते बाबात  स्थितिन दवरुंक  मेळचे ना अशे  भौशिक बांधकाम खात्याचे मंत्री दिगंबर कामत हांणी म्हणला. वास्कोचे आमदार कृश्णा साळकार हांणी लायटीचे, तशेच सिवरेज वा वीज खात्यावतीन लायनी घालपाक  रस्ते खणटात खरे मात  ते रिपेर  करीनात. ताका लागुन रस्त्याची परीस्थिती  बाबत जाता.  भौशिक बांधकाम खाते हो प्रस्न कसो सुटावो करतलो काय असो प्रस्न मंत्री दिगंबर कामत हांका केल्लो. त्या प्रस्नाक जाप दितना  मंत्री दिगंबर कामत  हांणी रस्ते खणुन तशेंच दवरपी खात्याआड कारवाय जातली अशे म्हणला तशेच सरकारान बोडीकेम दिले पुलीसुच तलाव दितले  आणि हेल्मेट दोघानीय वापरप गर्जे विशी नोटीस जारी करतले अशे मुखेल मंत्री प्रमोद सावंत हानी सांगले

५५

१६ जानेवारी हो ओपिनीयन पोल दीस राज्यभर अस्मिताय दीस म्हूण मनोवचो अशें राज्य सरकारान जाहीर केलां. ह्या निमतान सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक शाळांनी ह्या दिसा गोंयचे सांस्कृतिक दायज दाखोवपी कार्यावळी आंखच्यो अशें शिक्षण संचालनालयान

मागलां. भाशणां , चर्चासत्रां , गीत गायन , वादविवाद अशा वेगवेगळ्या कार्यावळींचो तांतून आसपाव आंसू येता अशे शिक्षण संचालनालयान उजवाडायल्या परिपत्रकांत म्हळां.

70

शिक्षणाच्या ताणान आत्महत्या करपाच्या प्रकरणात वाड, घुवळी वखदांच्या सेवनाची राज्यात वाडटी प्रकरणा, अपघाताच्या प्रमाणात वाड, बायलांचेर जावपी गुन्यावात वाड, चोरी, घरफोडी, तशेंच हेर गुन्हयावांची प्रकरणा गोयात वाडला. ह्या सगळ्याविंशी सराकर किते उपाय येवजण करता काय असो प्रस्न आमदाक कार्लुस फरेरा हांणी केल्लो. ह्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी जाप दितना राज्यात 86 टक्के गुन्हयावांचो सोद लावपाक पुलिशेक येस आयला अशे सांगले. हे शिवाय म्हाविद्यालयीन विद्यार्थ्यांचे समुउपदेशन करपी समुउपदेशक नेमपाची प्रक्रिया सरकारान सुरु केला अशी म्हायती तांणी दिली .

**हवामान 46**

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३२.४ डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २३.२ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

खेळ ५०

गोंय खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयान आयोजीत केल्ल्या दक्षिण विभागीय टेनिस बॉल क्रिकेट सर्तींत कामाक्षी माध्यमीक शाळेच्या चलयांच्या पंगडान जैत मेळयलें.